**<u>16 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय पत्रकारीता दीस</u>**

ता. 13 नोव्हेंबर 2020

राष्ट्रीय पत्रकारीता दिसानिमतान 16 नोव्हेंबर 2020 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय संपादक मंडळ, गोंय पत्रकांर संघ, गोंय फोटो पत्रकांर संघटना, इलेक्ट्रॉनिक माध्यम पत्रकांर संघटना, खेळां पत्रकांर संघटना आनी दक्षीण गोंय पत्रकांर संघटनेच्या जोड पालवान पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमाचे उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं जातले. म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव श्री. संजय कुमार कार्यक्रमाक मानाचे सोयरे आसतले.

भारतीय पत्रकारीता मंडळ स्थापणूकेच्या उगडासाक प्रत्येक वर्सा राष्ट्रीय पत्रकारीता दीस मनोवपात येता. ह्या कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं पत्रकारीतेतल्या योगदानाखातीर श्री. विल्फ्रेड पेरेरा, श्री. सुरेश वडावाडेकर, श्री. अनंत साळकर, श्री. सुरेश नाईक आनी श्री. सोयरू कोमरपंत हांचो सत्कार करपात येतलो. तशेंच फोटो सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटोवपात येतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/685

-